## लोकोत्सवात चित्रकला प्रदर्शनाचे आयोजन

## गोंयच्या चित्रकारां कडल्यान प्रवेशीकां मागयल्यात

ता. 6 जानेवारी 2026

कला आनी संस्कृती संचालनालया वतीन पश्चिम विभाग सांस्कृतीक केंद्र, उदयपूर हांच्या जोड पालवान दर्या संगम, कला अकादमी, कांपाल हांगा आयोजीत करपात येवपी वर्सुकीं राष्ट्रीय लोकोत्सवात गोंयच्या कलाकारांचे खास पेंटींग्स प्रदर्शन आयोजीत करपात येतले. "लोकोत्सवाची यशस्वी 25 वर्सां" ह्या संकल्पनेचेर आयोजीत करपात येवपी चित्रकला प्रदर्शनात गोंयच्या कलाकारांक आपल्या कलेचे प्रदर्शन मांडपाची संद मेळटली. कला अकादमीच्या कला दालनात हे प्रदर्शन मांडटले. प्रदर्शनात मांडपा खातीर पेंटिंग्स/कलाकृती कमीत कमी 1.5 फूट ते चडात चड 2.5 फुटाच्यो आसपाक जाय.

ह्या कला प्रदर्शनात भाग घेवपा खातीर गोंयच्या चित्रकारांनी आपली पेंटिंग्स/कलाकृती 16 जानेवारी 2026 दिसा मेरेन कला अकादमीच्या कला दालनात हाडून दिवपाक जाय. कला अकादमीच्या कार्यालयांत पावपाक जाय. चित्रकारांनी आपली पेंटीग्स / कलाकृतीच्या म्हायती सयत प्रवेशीके वांगडा सुपूर्द करपाक जाय. प्रवेशीका अर्ज आनी चड म्हायती खातीर 0832-2404630/2404606/600 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/20

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.